# पत्रकारांनी नैतिकता सांबाळून आनी जापसालदारकेन पत्रकारिता करची- श्री. मॉविन गुदिन्हो

ता. 16 नोव्हेंबर 2024

आदल्या काळांत पत्रकारिता ही नैतिकतेचो आदर करून चलताली, पुण आयची पत्रकारिता खंयच्या मार्गान चलता हाचे आत्मपरिक्षण करपाचो वेळ आयिल्लो आसा. पत्रकारितेक नैतिकता आसताली आनी ताचे पालन जाताले. पुण पत्रकारितेच्या क्षेत्रांत सोशल मिडियाचो शिरकाव जाल्ल्यान प्रसार माध्यमांची विश्वसनीयता धोक्यात आयिल्ली आसा. कांय लोक सरळ आपूण पत्रकार आशिल्ल्याचो दावो करपाक लागल्यात आनी चुकीची म्हायती प्रसारीत करून खऱ्या आनी प्रामाणिक पत्रकारांची प्रतिमा इबाडटात, अशें येरादारी मंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो हांणी सांगलें.

येरादारी मंत्री श्री. गुदिन्हो आयज म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान गोंय संपादक मंडळ, गोंय पत्रकांर संघ, गोंय फोटो पत्रकांर संघटना, इलेक्ट्रॉनिक माध्यम पत्रकांर संघटना, खेळां पत्रकांर संघटना आनी दक्षीण गोंय पत्रकांर संघटनेच्या जोड पालवान पणजे इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत आयोजीत राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले.

फुडें उलयतना गुदिन्हो हांणी सांगलें, आयज नकारात्मक आनी खळबळजनक बातम्यांक म्हत्व येवपाक लागला आनी खऱ्या आनी सकारात्मक बातम्यांकडेन दुर्लक्ष जावपाक लागला. हे सामजाक मारक आसा आनी लोकांची आनी खास करून युवा पिळगेची दिशाभूल करपी आसा. समाजात पत्रकारांप्रती आदर आसा आनी ही आदराची भावना सांबाळून दवरपा खातीर पत्रकारांनी आपली पत्रकारीता करतना समाजाचे हित पळोवपाक जाय, अशेंय तांणी सांगलें.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर हांणी येवकाराच्या उलोवपात लोकशाय समाजात पत्रकारितेक म्हत्वाचे स्थान आशिल्ल्याचें सांगून पत्रकारांच्या कल्याणा खातीर खात्यावतीन अंमलबजावणी करपात येवपी येवजणांची म्हायती दिली.

ह्या वेळार पत्रकारितेंतल्या योगदानाखातीर ज्येश्ठ पत्रकार श्री. आर. व्ही. प्रभूगांवकर हांका येरादारी मंत्र्याहस्तुकीं जीणेगौरव पुरस्कार भेटोवन तांचो भोवमान केलो. श्री. प्रभूगांवकर हांणी आपलो पत्रकारितेतलो अणभव सांगतना तरणाट्यांनी पत्रकारीतेत आपले कॅरिअर घडोवपाक फुडें येवपाक सांगले आनी पुरस्कारा खातीर सरकारचे उपकार मानले.

तशेंच ज्येश्ठ पत्रकार एलेक्झेंडर मोनिझ बार्बोझा, रामनाथ पै रायकार, सुशांत कुंकळ्येकर, प्रदीप पाटील आनी यशवंत पाटील हांचो पत्रकारितेंतल्या योगदानाखातीर सत्कार केलो.

तशेंच राष्ट्रीय एकात्मता आनी सामाजीक सलोखो गटांत उत्कृश्ट संपादक पुरस्कार गोमन्तकचे संपादक श्री. राजू नायक हांका “समता आणि बंधुतेची जिवंत प्रतीके!”, ह्या संपादकीय बरपा खातीर भेटयलो. ग्रामीण पत्रकारितेखातीर प्रुडंट मिडियाचे श्री विवेक प्रभू हांका तांच्या “100 year old flour mill at Savoi-verem fighting for existence”. ह्या लेखा खातीर पुरस्कार भेटयलो.

भौशीक भलायकी आनी नितळसाण बरपा खातीर प्रुडंट मिडियाचे विक्रम नायक हांका तांच्या “Shocking Alert sancoale Residents catch water supply tanker while

transporting sewage” ह्या बरपा खातीर, बायला, भुरगीं आनी सामाजीक विशयावयल्या बातमी खातीर प्रुडंट मिडियाचे श्री स्वप्निल तारी हांका तांच्या “Disability couldn’t disable Sukhada’s Ability” ह्या बातमी खातीर, खेळां पत्रकारितेखातीर टाईम्स ऑफ इंडिया चे श्री मार्कुस मर्गुलाव्ह हांका तांच्या ‘Siya’s Special Journey: From a remote Goa village to winning Olympic Gold’ ह्या बातमी खातीर आनी कला आनी संस्कृती पत्रकारितेखातीर प्रुडंट मिडियाचे शिरीष कुंकळेकर‘ हांका तांच्या Zagor of Kunkoliem ह्या बातमी खातीर भेटयलो.

उत्कृश्ट छायापत्रकार पुरस्कार ( वर्साचे उत्कृश्ट छायाचित्र) टाईम्स ऑफ इंडिया चे श्री. राजतिलक नाईक, शिक्षणीक पत्रकारितेखातीर टाईम्स ऑफ इंडियाची गौरी मळकर्णेकर हांका “UP,Raj,Odisha to use Goa coding,robotics edu model in pilot project” ह्या बातमी खातीर, सरकारच्या प्रगतीचेर लिखाणाखातीर गोवन वार्ताचे अजय लाड हांकां “कामुर्ली पंचायत बनली ऊर्जेबाबत स्वयंपूर्ण” ह्या बातमी खातीर भेटयलो.

तशेंच म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान आयोजीत फोटा सर्तीतल्या जैतिवंतांक ह्या वेळार इनामां भेटयली. पत्रकारांक ई-बायक विकती घेवपाक अर्थिक मजत ह्या येवजणेच्या पयल्या लावधारकाक मंत्र्याहस्तुकीं मंजूरी पत्र भेटयले.

गोवा पत्रकार संघटनेचे अध्यक्ष श्री. राजतिलक नायक हांणी पुरस्कार जैतिवंतांची वळख करून दिली.

सुरवातीक “Maintaining of Ethics and Accountability in Reporting ” ह्या विशयाचेर चर्चासत्र जातलें. तातूंत नामनेचे पत्रकार एलिस्टर मिरांडा, प्रसाद म्हांब्रे, न्युवटन सिक्वेरा आनी डॉ. ओलाव आल्बुकर्क वाटो घेतले. ग्लेन कॉस्ता हे सत्राचे मॉडरेटर आसतले.

कु. उत्कर्षा भोस्कुटे हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. सहाय्यक म्हायती अधिकारी श्री. श्याम गांवकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/652

--
---------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.